# बाल हक्क जाग्रुताय कार्यक्रमाचे उक्तावण

ता. 23 फेब्रुवारी 2017

भुरग्यांच्या हक्कांचे जतन करून प्रत्येक भुरग्याक संरक्षण दिवप ही समाजाची जापसालदारकी जावन आसा. भुरग्याची बरी वाड जावन ते भुरगे बरे नागरीक जातले जाल्यार ताका ताचे सगळे हक्क मेळपाक जाय. आपल्या देशाच्या घटनेत तजवीज केल्लेप्रमाण भुरग्याच्या हिताची राखण करप गरजेचे आसा, अशें मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठाचे न्यायाधिश ए.पी.लवंदे हांणी सांगले.

न्या.लवंदे आयज पाटो-पणजी हांगा गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणान उत्तर गोंय जिल्हो कायदो सेवा प्राधिकरणाच्या सहकार्यान आयोजित केल्ल्या बाल हक्क जाग्रुताय कार्यक्रमाच्या उक्तावण कार्यक्रमात उलयताले.

प्रत्येक नागरीकाक आपल्या घटनात्मक हक्कांची राखण करपाचो अधिकार आसा. भुरग्यांक न्याय दिवपाखातीर सरकारी खर्चान कायद्याची सेवा दिवपाक जाय. प्रत्येक भुरग्याक फुकट कायदो सेवा दिवप हे कायदो सेवा प्राधिकरणाचे कर्तव्य जावन आसा, अशेंय न्या.लवंदे हांणी सांगले.

गोंय राज्याचे ॲडव्होकेट जनरल श्री.सरेश डी. लोटलीकर हांचेय हे वेळार उलवप जाले.

राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणाचे वांगडी सचिवश्री.एस.सी.चांडक, न्यायाधिश, वकील संघटनेचे वांगडी, बिगर सरकारी संघटनाचे प्रतिनिधी, विद्यार्थी आनी नागरीक कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

उत्तर गोंय जिल्हो कायदो सेवा प्राधिकरणाची सचिव श्रीमती शबनम शेख हांणी निमणे उपकार मानले.